# शिरोडा हांगा राष्ट्रीय हातमाग दीस मनयलो

ता. 9 ऑगस्ट 2024

हस्तकला, लुगट आनी काथ्याकाम खात्यान काल 8 ऑगस्ट 2024 दिसा भटवाडी शिरोडा हांगाच्या महामाया सभाघरांत 10व्या राष्ट्रीय हातमाग दीस कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले. उदकास्त्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकार हांच्या हस्तुकीं कार्यक्रमाचे उक्तावण जालें.

हातमाग उद्देगांचे म्हत्व आनी देशाच्या सामाजिक-आर्थिक विकासाक योगदान हे विशीं जागृताय करपाच्या उद्देशान दर वर्सा 7 ऑगस्टाक राष्ट्रीय हातमाग दीस मनयतात. हातमाग उत्पादनांच्या खरेदीक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या उपक्रमाचो मुखेल उद्देश आसा.

ह्या वेळार उलयताना श्री. सुभाष शिरोडकार हांणी स्वयंपूर्ण जावपाच्या उद्देशान राष्ट्रपिता महात्मा गांधी हांणी सुरू केल्ल्या स्वदेशी चळवळीचो उगडास करून दिलो. गोंयांतले पयले हातमाग केंद्र 1987 वर्सा शिरोडा मतदारसंघात सुरू जाले. लोकांनी हातमाग उत्पादनां खरेदी करून हातमाग विणकारांक मदत करपाची गरज आसा. आयज देशांत 40 लाखां वयर हातमाग विणकांर आसून हातमाग उत्पादनांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर हस्तकला खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी गावगिऱ्यां वाठारांनी वचपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

हातमाग विणकारांक मदत करपा खातीर सहकार खात्याच्या सहकार्यान एक येवजण चालीक लावपा खातीर प्रयत्न चालू आसा, तशेंच बंद केल्ल्या सरकारी शाळांच्या जागेत हातमाग प्रशिक्षण केंद्रा सुरू करपाचोय विचार आसा. कुशळटाय विकास ह्या सारख्या उपक्रमातल्या महिला सशक्तिकरणा खातीर सरकारचे प्रयत्न चालू आसात, अशेंय तांणी फुडें सांगलें.

शिरोडेची सरपंच श्रीमती मुग्धा शिरोडकर, जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. नारायण कामत, अस्तुरी क्लस्टर फेडरेशनाच्यो अध्यक्ष गौरी शिरोडकर हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

पंचवाडीच्यो सरपंच श्रीमती लिना डिकॉस्ता, बोरीचे सरपंच श्री. सतीश नाईक, बेतोडेचे सरपंच श्री. मधू खांडेपारकर, हस्तकला खात्याच्यो अवर सचीव श्रीमती दर्शनी देसाय आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें. ह्या वेळार हातमाग विणकारांचो सत्कार केलो.

सुरवातीक हस्तकला, लुगट आनी कॉयर खात्याच्यो संचालक श्रीमती संध्या कामत हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. सहाय्य संचालक श्री. सोहन उस्कईकर हांणी निमाणे उपकार मानले. श्रीमती रविनी दावरे हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/384

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.